# <u>सहकार सप्तकाची कार्यावळ</u>

ता. 10 नोव्हेंबर 2022

सहकार खात्यावतीन 14 ते 20 नोव्हेंबर 2022 मेरेन सहकार सप्तक मनोवपात येतलो. "India@75: **सहकार क्षेत्राची वाड आनी भवितव्य सामकार" अशी हृया वर्साच्या सहकार सप्तकाची संकल्पाना आसा**. सहकार सप्तकानिमतान खात्यान राज्यांत साबार कडेन सहकार संस्थांच्या सहकार्यान कार्यक्रमांचे आयोजन केला. ता. 14 नोव्हेंबर 2022 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर गणेशोत्सव मंडळ सभाघर, शिरोडा बाजार शिरोडा  हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं सहकार सप्तकाचे उक्तावण जातले. सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, शिरोडा ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती मुग्धा मेघश्याम शिरोडकर जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. नारायण कामत, सहकार सचीव एम. आर. एम. राव आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हजर रावतले. एसआरवी लॉजिस्टिक इंडिया ली. चे वेवस्थापकीय संचालक कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी आसतले.

ता. 15 नोव्हेंबर 2022 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर बार्देस बाजार सहकारी संस्था, म्हापसा,  ता. 16 नोव्हेंबर 2022 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर कुर्डी विविध कार्यकारी सेवा संस्था, वाडे कुर्डी, सांगे,  ता. 17 नोव्हेंबर 2022 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर वाडेनगर अर्बन कॉ-ऑपरेटिव्ह संस्था, न्यु वाडे वास्को हांच्या वतीन रविंद्र भवन वास्को हांगा कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येतले. ता. 18 नोव्हेंबर 2022 दिसा जन विकास विविध कार्यकारी सहकारी सेवा संस्था, गांवडोंगरी काणकोण हांच्या वतीन गांवडोंगरी पंचायत सभाघरांत सहकार सप्तक कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येतले.  ता. 19 नोव्हेंबर 2022 दिसा वरगांव अर्बन कॉ-ऑपरेटिव्ह संस्था, माशेल हांच्या वतीन लोटस् सभाघर, माशेल खांडोळा  हांगा सहकार सप्तक कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येतले.

ता. 20 नोव्हेंबर 2022 दिसा परिशद सभाघर, सहकार संकुल, पाटो पणजी  हांगा सप्तकाचो समारोप कार्यक्रम जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत,  सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, सहकार सचीव एम. आर. एम. राव, ज्येश्ठ सहकार आयात- निर्यात कंसल्टंट  श्री. विठ्ठल वेर्णेकर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/695

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji